**<u>वीज बील चड आयिल्ल्या कागाळेविशीं वीज खात्याचो खुलासो</u>**

ता. 16 जुलय 2020

वीज गिरायकांक वीज बिलांची रक्कम चड आयिल्ल्याची बातमी साबार खबरांपत्रांनी उजवाडाक आयल्या. अशा बातमी संदर्भात वीज खात्यान खुलासो केला की राज्यांत कोरोना-19 च्या फाटभूंयेर लॉकडावन केल्ल्यान वीज गिरायकांक म्हयन्याचें बील वेळार दिवप शक्य जावक ना. उपरांत दिल्ली बिलां फारीक करपाची मुजत वाडोवन आनी उसरां फारीक रक्कम माफ करून दिल्यात. वीज मिटराचेर नोंद जाल्ल्या वीज वापराच्या काळाप्रमाण हिशेब करून ती दिल्यात.

लॉकडावना पयली आनी लॉकडावनाच्या काळात वापरिल्ल्या वीजेचो बिलांनी आस्पाव आसून लॉकडावन काळात लोक चड करून घरांतूच आशिल्ल्यान वीजेचो वापर चड जातालो. लोक आताच्या बिलाची तुळा पयलीच्या बिलाकडेन करतात. लॉकडावनाच्या काळात वीजेचो वापर चड जाल्ले बाबीकडेन आडनदर करतात आनी मीटरान चुकीचे रिडींग दाखयला आनी खात्यान चुकीच्या रिडींगाच्या आदाराचेर चड बील दिला म्हुण कागाळ करतात, अशें खात्याच्या निदर्शनाक आयला.

गिरायकांचो हो दावो चुकीचो आसून वीज मीटरान वीज वापराविशीं केल्ल्या नोंदणी प्रमाण बिलां दिल्यात, अशें खुलाशात म्हणला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/393

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA